## **शिंप्यांखातीर स्वावलंबन येवजण**

ता. 16 नोव्हेंबर 2020

गोंय सरकाराच्या हस्तकला, कपडो आनी काथ्याकाम संचालनालयाचो "हस्तकला कारागिरां खातीर स्वावलंबन येवजण" ह्या येवजणे खाला विद्यार्थांचे युनिफॉर्म, पँट, शर्ट शिवपाचो वेवसाय करपी मास्टर शिंप्यांचे (कारागिर) एम्पॅनल करपाचो प्रस्ताव आसा.

मास्टर टेलरांक शिक्षण संचालनालयाक आवश्यकता आशिल्ले शाळां युनिफॉर्म शिंवचें पडटले. इत्सुक मास्टर टेलरांनी नाव, नामो, ग्रामपंचायत, पिराय, फोन नंबर, शिवणकामाचो जागो, शिवण कामाचो अणभव, ह्या पयली युनिफॉर्म शिवपाचे काम केल्ले आसल्यार ताच्या म्हायती सयत आपले अर्ज ता. 27 नोव्हेंबर 2020 मेरेन खात्याकडेन सुपूर्द करचे.

मास्टर टेलरांनी आपले अर्ज dhtcgoa@gmail.com ह्या ई-मेलाचेर वा 8805174188 ह्या नंबराचेर व्हॉटसॅप करचे वा संचालक, हस्तकला, कपडो आनी काथ्याकाम संचालनालय, हस्तकला प्रकल्प, नेवगी नगर, पणजी गोंय ह्या नाम्याचेर पोस्टातल्यान अर्जाची हार्ड कॉपी धाडची. निवड समिती वतीन एम्पॅनलाखातीर मास्टर टेलरांची निवड जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/694

ssued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji